5 February 2025 आकाशवाणी पणजी 6.30pm

राष्ट्रीय खबर

दिल्ली मतदान - 140

दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेंखातीर आयज सांजे 5 वरा मेरेन सुमार, 57.70 टक्के मतदान नोंद जाला. 70 वांगड्यांचे विधानसभा वेंचणुकेखातीर, आयज सकाळीं 7 ते सांजे 6 मेरेन मतदान जाले. सगळयांत चड मतदान टक्केवारी North East Delhi जिल्ह्यांत 63.83 टक्के आनी शाहदरा हांगा 61.35 टक्के मतदानाची टक्केवारी नोंद जाल्या. उत्तर दिल्लींत 57.24 आनी North West 58.05 टक्के मतदानाची नोंद जाल्या. जाल्यार सगळयांत उणी South East जिल्यात 53.77 टक्के मतदान नोंद जाले. तमिळनाडूतल्या इरोड-ईस्ट विधानसभा सुवातेर आनी उत्तर प्रदेशांतल्या मिल्कीपूरांत पोट वेंचणुकेखातीर मतदान जाले.

मजगती, आम आदमी पार्टीचे राष्ट्रीय निमंत्रक अरविंद केजरीवाल, दिल्लीचो मुख्यमंत्री अतिशी, दिल्लीचे मंत्री गोपाल राय, भाजपाचे विजेंद्र गुप्ता, प्रवेश वर्मा, रमेश बिधुरी, आनी कैलाश गहलोत ह्या मुखेल उमेदवारांचो फुडार, ह्या वेंचणुकेर आदारुन आसा. काँग्रेसीचे फुडारी संदीप दीक्षित, हारून युसुफ आनी आल्का लांबा हे उमेदवार लेगीत, ह्या राजकी झुजा रिंगणात आसात.

PM महाकुंभ – 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज, प्रयागराजांतल्या महाकुंभ हांगा, त्रिवेणी संगमांत पवित्र स्नान केले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, मोदी हांणी सांगलां, कि संगमांत घेतलेले हे स्नान म्हळयार, एक दैवी खीण आसा. थंय स्नान केल्ल्या, हेर कोटीवयर लोकांप्रमाण, आपूणय भक्तीच्या भावनेन भरून गेला. माँ गंगा देशवासियांक शांती, बुद्धी, बरे भलायकेचो आशीर्वाद दितली, अशी आस्त प्रधानमंत्री मोदी हांणी उक्तायली.

मजगती, केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू हाणी लेगीत आयज सकाळीं, महाकुंभाक वचून, संगमांत स्नान केले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, तांणी सांगलें, कि महाकुंभ 144 वर्सांनी, एक फावट येता आनी अशा इतिहासीक खिणाचेर, कोणेंच राजकारण करचें न्हय.

महाकुंभांत येवपी लोकांचो आंकडो मोठो आशिल्ल्यान, मेला प्राधिकरणाच्या मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवचो, अशेंय मंत्री रिजिजू हाणी सांगलें.
त्रिवेणी संगमांत आतां मेरेन, 39 कोटी परस चड भक्तांनी पवित्र स्नान केला.

जयशंकर – 50

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांणी आयज नवी दिल्लींत, युएनजीएचे अध्यक्ष फिलेमन यांग हांची भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत डॉ जयशंकर हांणी सांगलें, कि तांणी संयुक्त राष्ट्राच्या अजेंडातल्या, वेगवेगळया प्रस्नांचेर चर्चा केली. प्रादेशिक, संवसारीक आनी उदरगतीच्या विषयांचेरय, विचारांचे दिवप - घेवप केले, अशें मंत्री जयशंकर हाणी मुखार सांगलें.

वैष्णव ओपन एआय – 60

म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज, ओपन-एआयचे सीईओ सॅम अल्टमन हांची भेट घेतली. मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें, कि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तंत्रगिन्यानाचें लोकशायीकरण करपाक, आमका मार्गदर्शन करता आनी आल्टमन हांणी, प्रधानमंत्र्यांच्या ह्या दृश्टीकोनाची तोखणाय केल्या. ओपन- एआयच्या सीईओ कडेन, जीपीयू, मॉडेल, आनी ॲप्स तशेच पुराय एआय स्टॅक तयार करपाचे रणनितीचेर चर्चा केली, अशेंय मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें.

भांगराची मागणी – 70

देशभरात भांगराक आशिल्ली मागणी, वर्साक 5 टक्क्यांनी वाडल्या. 2024 वर्सा 802.8 टन इतली मागणी आशिल्ली जाल्यार, 2023 वर्सा 761 टन इतली भांगराक, मागणी आशिल्ली. आयात कर उणो जावप, आनी लग्न, उत्सवा संबंदीत खरेदी, हांकां लागून मागणेत वाड जाल्ली, आसू येता. भांगराचे वट्ट मागणी मोल 2023 वर्सा, 3 लाख 92 हजार कोटी रुपया आशिल्लें. ते 2024 वर्सा 31 टक्क्यांनी वाडून, 5 लाख 15 हजार 390 कोटी रुपया इतले जाल्ले.

<u>पंजाब इंडियन – 50</u>

अमृतसरांतल्या श्री गुरू रामदास जी, आंतरराष्ट्रीय विमानतळार आयज दनपारां, 104 बेकायदेशीर भारतीय स्थलांतरीतांक घेवन, अमेरिकेचें विमान देंवलें. सूत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण, हातूंतले 30 जाण पंजाबांतले जाल्यार हेर चंडीगढ, हरियाणा, गुजरात, महाराष्ट्र, उत्तर प्रदेशांतले आसात. अमृतसर प्रशासनान विमानतळ अधिकाऱ्यांच्या समन्वयान सगली वेवस्था केल्या. अमेरिकेंत नवी राजवट आयले उपरांत, अशे तरेची ही पयली फावट आसा.

<u>TENNIS – 50</u>

रोझारियो चॅलेंजर टेनिस सर्तींत, आयज रातीं आर्जेन्टिनांत जावपी दादल्यांच्या एकोड्या गटाच्या, प्री-क्वार्टर फायनलींत, भारतीय खेळगडो सुमित नागल आनी बोलिव्हियाचो ह्यूगो डेलियन हांचे मदीं खेळ जातलो. हाचे आदीं रेन्झो ओलिव्होचेर जैत मेळोवन, ह्या भारतीय खेळगड्यान सोळाव्या फेरयेंत पावल घाल्ले. सोमारा नागलान, ऑलिव्होचेर 5-7, 6-1, 6-0 अशे जैत मेळयल्ले.